**शिक्षण खात्याच्या अधिकाऱ्यांक रोबोटीक शिक्षण संकल्पनेचो अभ्यास करपाची मुख्यमंत्र्यांची सुचोवणी**

ता. 16 एप्रिल 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज सचिवालयातल्या परिशद सभाघरात लेट्स रोबो एजन्सीच्या – *Lets Robo* अधिकाऱ्यांवांगडा बसका घेतली.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी शिक्षण अधिकाऱ्यांक रोबोटीक शिक्षण संकल्पना म्हणजे कित्ये आनी ती शिक्षणीक अभ्यासक्रमात प्रत्यक्षात कशी अंमलात हांडप शक्य आसा हाचो अभ्यास करपाक सांगले.

विज्ञान आनी तंत्रज्ञानमंत्री श्री. मायकल लोबो, एससीईआरटी संचालक श्री. नागराज होन्नेकरी, शिक्षण खात्याचे अधिकारी बसकेक हजर आशिल्ले.

गोंयांत रोबोटीक शिक्षणाक प्रोत्साहन दिवपाच्या उद्देशान ह्या बसकेचे आयोजन केल्ले. कोल्हापूर हांगाची लेटस् रोबो ही एजन्सी रोबोटीक शिक्षणाक प्रोत्साहन दिता. एजन्सीच्यो मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्रीमती रेश्मा सावरकर हांणी पॉवर पॉईंट प्रेजेंटेशन माध्यमावरवीं रोबोटीक शिक्षणाची म्हायती दितना भुरग्यांक आपली सृजनशीलता वाडोवपाक रोबोटीक शिक्षणाची कशीं मदत जाता हे विशीं म्हायती दिली. रोबोटीक्स हे शिकवणी कार्यक्रमाचे एक प्रभावी माध्यम जावन आसा आनी भुरग्यांची कुशळटाय वाडपाक मदत जाता. तशेंच भुरग्यांमदी विज्ञान, गणीत विशयांवांगडाच तंत्रज्ञानाची आवड निर्माण जाता. वास्तवीक जीणेतल्यो अडचणी सोडोवपाक विज्ञान आनी तंत्रज्ञानाचो उपेग करपाक सृजनशील जावपाक मदत जाता. तंत्रज्ञानाचे गिरायक जावपाबदला निर्मातो जावपाक प्रोत्साहन मेळटा.

त्याउपरांत मुख्यमंत्र्यान पत्रादेवी हांगा नियोजीत गोंय स्वातंत्र्य सैनिक संकल्पनेच्या डिझायनाचेर पॉवर पॉईंट प्रेजेंटेशन पळयले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/412

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji